Akashvani Panaji National news

8.40 am 4th August 2025

दीनदयाल बंदर प्राधिकरण, कंदला हांणी  बंदर क्षेत्रांत भारताचो पयलो मेक-इन-इंडिया ग्रीन हायड्रोजन प्लांट सुरू केला. बंदर प्राधिकरणान म्हणलां, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या नेट झीरो दृश्टीकोना वतीनं हे  एक बळिश्ट पावल आसा . प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, हो एक तोखणायेचो यत्न, शाश्वतपणाक आनी नेट-झीरो दृश्टीकोनाक बळगें दिता . केंद्रीय मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हांणी उक्तावण केल्ल्या ह्या प्रकल्पांत पाचव्या बंदराच्या मुळाव्या साधनसुविधां विशीं भारताची प्रगती उजवाडाक आयल्या. फकत चार म्हयन्यांनी बांदिल्लो हो प्लांट मे 2025 वर्सा  प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी  हांणी जाहीर केल्ल्या व्हडल्या 10 मेगावॅट ग्रीन हायड्रोजन प्रकल्पाचें पयलें मॉड्यूल आसा.140 मेट्रीक टन ग्रीन हायड्रोजनाची वर्सुकी उत्पादन क्षमता आशिल्ली ही सुविधा भारताच्या नेट झीरो प्रवासांत एक मुखेल मार्गदर्शक फातर थारता. मेगावॅट प्रमाणांत पाचवो हायड्रोजन प्लांट सुरू करपी पयलें भारतीय बंदर दीनदयाल बंदर जालां. पुरायपणान भारतीय अभियंत्यांनी विकसीत केल्लो हो प्लांट निवळ उर्जा क्षेत्रांत आत्म-निर्भर भारता खातीर एक मापदंड थारायता.हो उपक्रम डीपीएच्या आदल्या पाचव्या यशा उपरांत - भारतांतलें पयलें मेक-इन-इंडिया इलेक्ट्रीक ग्रीन टग सुरू केलां. ही अत्याधुनीक सुविधा शाश्वत  दर्यावेल्या वेव्हारांत भारताचें फुडारपणय घटमूट करता.

---

फिलीपीन्साचे राष्ट्राध्यक्ष  फर्डिनांड आर मार्कोस जुनियर आयज दनपारां  पांच दिसांच्या भारत  दौर्‍यार  नवी दिल्ली पावतले. ताचे वांगडा पयली लेडी लुईस अरानेटा मार्कोस आनी वेवसायीक प्रतिनिधी वांगडाच जायते मंत्रीमंडळ मंत्री, हेर मानेस्त आनी वरिश्ठ अधिकारी हांचो आस्पाव आशिल्लो उंचेल्या पांवड्याचो शिश्टमंडळ आसतलो. फिलीपीन्साच्या अध्यक्षपदाचो पदभार घेतल्या उपरांत

राष्ट्राध्यक्ष मार्कोसाची ही पयलीच भारत भेट आसतली. हे भेटी वेळार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी राष्ट्राध्यक्ष मार्कोस हांचे मदीं फाल्यां द्विपक्षीय चर्चा जावपाची आसा. राष्ट्राध्यक्ष मार्कोस हे राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मूचीय भेट घेतले . हे भेटी वेळार विदेश वेव्हार  मंत्री dr s जयशंकर हे राष्ट्राध्यक्ष मार्कोसाची  भेट घेवपाचे आसात. राष्ट्राध्यक्ष मार्कोस फिलीपीन्सांत परत येवचे पयलीं बेंगळुरूकय भेट दितले

---

नवी दिल्लीच्या भारत मंडपांत आयज सांजवेळार पयलेच खेपे बिमस्टेक पारंपारीक संगीत महोत्सव जातलो. विदेश वेव्हार  मंत्री DR S जयशंकर ह्या कार्यावळीचें उक्तावण करतले. भारत, बांगलादेश, भूतान, म्यानमार, नेपाळ, श्रीलंका, थायलंडांतले कलाकार  सादरीकरण करतले. इंडियन काउन्सिल फॉर कल्चरल रिलेशन्स (आयसीसीआर) हांणी आयोजीत केल्ल्या ‘सप्तसूर: सेवन नेशन्स, वन मेलोडी’ नांवाच्या ह्या महोत्सवांत सात बिमस्टेक देशांतल्या वेगवेगळ्या संगीत परंपरांचो उत्सव जातलो.

---

भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्या चलन धोरण समितीची रेपो दर कपात करपा विशीं आयज 3 दिसांची बसका सुरू जातली. आरबीआयचे राज्यपाल संजय मल्होत्रा हांच्या अध्यक्षतेखाला समितीचो निर्णय बिरेस्तारा जाहीर जातलो. भारतीय स्टेट बँकेच्या अहवाला प्रमाण आरबीआय दिवाळे आदीं पतपुरवठ्याची वाडी  खातीर आपल्या चलन धोरणाच्या नियाळांत 25 बेसिस पॉयंट रेपो रेट कापपाची घोशणा करूंक शकता. दिवाळे पयलीं खंयच्याय रेपो दरांत काप केल्यार सणाच्या काळांत पतपुरवठ्याची वाड चड जाता अशें  फाटल्या आंकड्यां प्रमाण दिसून येता.दिवाळी भारतांतलो एक व्हडलो उत्सव आशिल्ल्यान गिरायकांचो चड खर्च दिसता, आनी दिवाळी पयलीं उण्या व्याजदराचें वातावरण पतपुरवठ्याची वाड करपाक मदत करता.  सलग तीन फावटीं वट्ट 100 बेसिस पॉयंटांनी दर कापल्या उपरांत केंद्रीय बँकेन रेपो दर 5.5 टक्क्यांनी दवरपाची शक्यताय आसा अशें कांय अर्थशास्त्रज्ञांचें मत आसा.

२०२५-२६ या आर्थिक वर्साच्या पहिल्या तिमाहीत भारताच्या स्मार्टफोन निर्यातीत विक्रमी उच्चांक पार केला. फाटल्या वर्साच्या  तुळेत ती ५८ टक्क्यांनी वाढून ७.७२ अब्ज डॉलर्साचेर पावल्या. मेळील्ल्या म्हायतीप्रमाण, ह्या वाडीत सगळ्यात व्हड वाटो हो ॲपल कंपनीचो आसा. ॲपल कंपनीन कंत्राटी उत्पादकांवरवी स अब्ज डॉलर्स किमतीचे आयफोन निर्यात केल्यात. फाटल्या वर्सापरस ही टक्केवारी ८२ टक्क्यानी चड आसा. ह्या तिमाहीत एकूण स्मार्टफोन निर्यातीत सुमारे ७८ टक्के वाटो हो तंत्रगिज्ञान क्षेत्रातल्या दिग्गज कंपनीचो आसा.२०२१ या आर्थिक वर्सात भारतान तीन अब्ज १० दशलक्ष डॉलर्स किमतीचे स्मार्टफोन निर्यात केले. २०२५ मेरेन हो आकडो २४ अब्ज १० दशलक्ष डॉलर्समेरेन वाडलो, तातूंत ॲपलचे १७.५ अब्ज डॉलर्सचे योगदान आसा. हेर मुखेल निर्यातदारांमदी डिक्सन टेक्नॉलॉजीजची उपकंपनी पॅजेट इलेक्ट्रॉनिक्सचो आस्पाव आसा तांणी १७५ दशलक्ष डॉलर्स किमतीचे स्मार्टफोन निर्यात

---

जम्मू-काश्मीरांतल्या बाल्टाल आनी पहलगाम ह्या दोनूय मार्गांचेर श्री अमरनाथ जी यात्रा स्थगीत केल्या. हालींच जाल्ल्या व्हड पावसाक लागून बाल्टाल आनी पहलगाम ह्या दोनूय मार्गांचेर गंभीर दुरुस्ती आनी देखरेखीचें काम करचें पडटा अशें काश्मीराचे विभागीय आयुक्त विजय कुमार बिधुरी हांणी निवेदनांत म्हणलां. यंत्रणेची तैनाती चालू आशिल्ल्यान प्रशासनाक यात्रा परतून सुरू करपाक मेळची ना अशें दिसून आयलां अशें तांणी सांगलें. फाटल्या म्हयन्याच्या 3 तारखेक यात्रा सुरू जाले उपरांत ह्या वर्सा श्री अमरनाथजीच्या पवित्र लेण्यांत 4.14 लाखां परस चड यात्रेकरूंनी भेट दिली

---

उत्तर प्रदेशांत सतत पावस पडपाक लागून जायत्यो न्हंयो धोक्याच्या निशाणा वयल्यान वयर सरल्यात आनी ताका लागून 17 जिल्ह्यांनी हुंवार आयला. बाधित वाठारांनी बचाव आनी मदत कार्यावळी सुरू आसात. उत्तर प्रदेशांत हुंवाराचो परिणाम 37 तहसील आनी 402 गांवांचेर जाला आनी चौद्यायशी  हजारां परस चड लोकांक त्रास जाला. सध्या 17 जिल्ह्यांनी-कानपूर नगर, लखीमपूर खेरी, आगरा, औरैया, चित्रकूट, बलिया, बांदा, गाजीपूर, मिर्जापूर, प्रयागराज, वाराणसी,

चंदौली, जलौन, कानपूर देहात, हमीरपूर, इटावा, आनी फतेहपूरांत हुंवाराच्या परिणामाक तोंड दितात अशी म्हायती मजत आयुक्त भानु चंद्र गोस्वामी हांणी दिली. आदार आनी बचाव कार्यावळी पुरायपणान सुरू आसात, एनडीआरएफ, एसडीआरएफ, आनी पीएसी कर्मचाऱ्यांनी सतत गस्त घालता. सध्या वट्ट 905 हुंवार आलाशिरो पंगड आसात. 757 भलायकी पंगड वैजकी तपासणी करतात, जाल्यार विकसीत जावपी परिस्थितीचेर नियंत्रण दवरपा खातीर 1,193 हुंवार चौकी स्थापन केल्यात. हुंवाराक लागून आतां मेरेन 343 घरांचें लुकसाण जालां आनी 4,015 हेक्टरां वयर जमनीचेरूय परिणाम जाला. मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथ उत्तर प्रदेशांतल्या हुंवाराचे परिस्थितीचेर बारीकसाणेन नदर दवरतात, वेळार निर्देश जारी करून प्रभावी मदत यत्न सुनिश्चीत करतात. तांच्या सुचोवण्यां प्रमाण वागून राज्य मंत्री बाधित वाठारांची तपासणी करतात.

---

काकतिया मेगा कापड उद्यानाक लागून 10 हजार कोटी रुपयांची गुंतवणूक मेळटली असो अदमास केंद्रीय कोळसो, खण मंत्री जी किशन रेड्डी हांणी सांगलां. ह्या उपक्रमांक लागून सुमार दोन लाख लोकांक रोजगार मेळटलो अशें तांणी सांगलें. हैदराबादच्या शिलपारमाम हांगा, राष्ट्रीय हातमाग दीस मनोवपा खातीर सप्तकभर चलपी कार्यावळीक मार्गदर्शन करतना मंत्री रेड्डी हांणी सांगलें कि , केंद्रान 100 इलॅक्ट्रॉनीक विणपाचीं मशीनां वांटून दिल्यांत आनी 31 हातमाग उत्पादक कंपनीं स्थापन करपाक मदत केल्या.

---

भारतीय हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेश, आसाम , मेघालय, बिहार, हिमाचल प्रदेश, केरळ, माहे, अस्तंत बंगाल, तमिळनाडू, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंडात उटानगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला .

---